# तानावडे हांची ‘भारत पर्व, उत्सवाक भेट

ता. 29 जानेवारी 2026

राज्यसभा खासदार श्री. सदानंद तानावडे हांणी आयज नवी दिल्लीत लाल किल्ल्या सामकार आयोजीत “भारत पर्व” उत्सवाक भेट दिली. तांणी गोंयच्या पर्यटन खात्याच्या दालनाक भेट दिवन राज्याचो समृध्द सांस्कृतीक वारसो, पर्यटन साधनसुविधा आनी इतिहासीक दायज प्रदर्शनाची पळोवणी केली.

पर्यटन खात्याचे भिवा गावकर, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे जोड संचालक पंकज मराठे, सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्याम गावकर हांणी तानावडे हांका येवकार दिलो.

तानावडे हांणी गोंयच्या कलाकारां वतीन सादरीकरण केल्ल्या गोंयची पारंपरीक लोककला आनी सांस्कृतीक कार्यक्रमांक उपस्थित रावन कलाकारांची तोखणाय केली. तशेंच तांणी “भारत पर्व 2026” उत्सवात “स्वतंत्रता का मंत्र-वंदे मातरम्” ह्या संकल्पनेतल्यान गोंय मुक्ती चळवळ आनी गोंयच्या पारंपरीक लोकनाच आनी सांस्कृतीक वारशाचें दर्शन घडोवपी चित्ररथाक भेट दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/79

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.